# गोंय विद्यापीठान संशोधन सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 2 फेब्रुवारी 2026

गोंय विद्यापीठान गोंय राज्य संशोधन फांवडेशन पुरस्कृत “An Assessment of Water, Sanitation and Hygiene Facilities in Schools and Girls Education in Goa”, (गोंयच्या शाळांनी आनी चलयांच्या शिक्षणांत उदक, नितळसाण आनी भलायकी सुविधांची मोलावणी) ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर महिला अभ्यास कार्यक्रम विभाग, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वागणूक अभ्यास स्कुल, गोंय विद्यापीठ हांगा काम करपाक एका संशोधन सहाय्यक पदा खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान साद्या पेपराचेर अर्ज मागयल्यात.

प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसून उमेदवारा कडेन किमान 55 टक्के गुणांसयत समाजशास्त्रातली पदव्युत्तर पदवी पात्रताय आनी संशोधन कामाचो अणभव आसपाक जाय. कोंकणी, मराठी आनी हिंदी भाशेचें गिन्यान आवश्यक आसा. डेटा एनालिसीस सॉफ्टवेअर गिन्यान आशिल्ल्या उमेदवाराक प्राधान्य आसतले. म्हयन्याक 20,000/- रूपया शिश्यवृत्ती आसतली. वाठारांनी वचून करपाच्या कामा खातीर प्रवास भत्तो वेगळो दितले. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सां वयर आसपाक फावना.

मुलाखत 11 फेब्रुवारी 2026 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर महिला अभ्यास कार्यक्रम विभाग, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वागणूक अभ्यास स्कुल, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. उमेदवारांनी आपलो अर्ज मुखेल संशोधक डॉ. सुलोचना सुरेश पेडणेकर, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव पठार- 403206 हांच्या नांवान बरोवचो. उमेदवारांनी आपलो सीव्ही आनी दाखल्यांच्यो प्रती तशेंच मुळ दाखले मुलाखतीक येतना वांगडा हाडचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/91

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.